# पिकी पिकी काजुले

कोंकणी विभाग

पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय

मडगांव गोंय

Parvatibai Chowgule College of Arts and Science 1962-2012


उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले
आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.


वर्स - 14 | डिसेंबर 2021 | अंक - 02




## लेखक जॅस फॅर्नांडीस आमचे भेटेक



नोव्हेंबरचे 11 तारकेर सकाळीं 10.00 वरांचेर आमच्या महाविद्यालयांत नामनेचे कोंकणी लेखक जॅस फॅर्नांडीसान कोंकणी विभागाच्या विद्यार्थ्यांक भेट दिली. ही कार्यावळ कोंकणी विभागाचे मुखेली डॉ. गुणाजी सदानंद देसायान घडोवन हाडिल्ली. सगळ्यांत पयलीं जॅस फॅर्नांडीस भितर सरले तेन्ना सगळ्या भुरग्यांनी तांचें ताळयांच्या घडघडान स्वागत केलें. उपरांत गुणाजी सरान तांचो परिचय करून दिलो. ताणीं मांडो, कथा, कादंबरी, कविता झेले बरयल्यात. तांकां तांच्या साहित्या खातीर खुबशे पुरस्कार फावो जाल्यात. 2009 वर्सा तांकां साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार किंरवट पुस्तकापासत फावो जालो. ते जायत्या संस्थांचेय वांगडी आसात. उपरांत कार्यावळीचीं फुडलीं सुत्रां जॅसबाबांकडेन सोपयलीं. ताणीं पयलीं कोंकणी भाशेचेर उलोवपाक सुरूवात केलें. कोंकणी भास कितली पोरनी हाची माहीती दिली. उपरांत तिसऱ्या वर्साच्या भुरग्यांनी तांकां कांय प्रस्न विचारले तांच्यो जापो ताणी सरळ सोपे भाशेंत सांगल्यो. जशीं जाण्टीं मनशां ल्हान भुरग्यांक काणयो सांगतात तशी ताणीं भुरग्यांक आपल्या जिवीताची काणी सांगली. ल्हानपणां पासून ताणी गरीबी पळयला देखून ते अन्नाच्या एक एक दाण्याचें महत्व ते जाणात. ते खातीर आतां आपले तरेन ते लोकांक मदत करपाचो प्रयत्न करतात. थंय आशिल्ल्या प्रत्येक भुरग्याक ते कितें सांगता तें आयकपाक बरें दिसतालें. ताणीं ताच्या जल्मा पासून तें आतां मेरेन आपल्या जिणेंत घडिल्ल्यो कांय खाशेल्यो गजाली सांगल्यो. तांच्या जिवीतांत आयिल्ल्या प्रसंगांक ताणीं कशें तोंड दिलें, साहित्य बरोवपाक ताणीं केन्ना आनी कशी सुरवात केली, साहित्यीक मळार येवचे पयलीं ते कसलो वावर करताले आनी ताणीं थंय कसले अणभव घेतले हें सगळें सांगतना तांच्या दोळ्यांत दुखां दिसतालीं. तांच्या ह्या प्रवासा विशीं आयकून आमच्याय दोळ्यांत दुखां आयलीं. फुडें ताणीं रेंदेर आनी किंरवट ह्या दोन पुस्तकां विशीं आपल्यो यादी सांगल्यो. उपरांत ताणीं विद्यार्थांक कांय सुचवण्योय दिल्यो. कोंकणी भाशेची उदरगत जावपा खातीर भुरग्यांनी, पालकांनी, संस्थांनी कितें करपाक जाय हेंय ताणीं आमकां सांगलें. गुणाजी सरान तांका 'रायटर आनी फायटर रवींद्र केळकार' हांच्या जिवीताचेर आधारीत एक पुस्तक भेटयलें आनी निमाणे कडेन आश्ना कुलासोन सगळ्यांचे उपकार आठयले.



संजना नाईक

**भितरल्या पानार -**


2 – मळबगंगा

3 – परमळ

4 – उजवाड नखेत्रांचो




# येवकार सुवाळो







27 नोव्हेंबर 2021 ह्या दिसा पार्वतीबाय चौगुले महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागांतल्या पयल्या आनी दुसऱ्या वर्साच्या भुरग्यां खातीर येवकार सुवाळो आयोजीत केलो. कोंकणी विभागांतल्या शिक्षकांनी आनी तिसऱ्या वर्साच्या भुरग्यांनी हो कार्यक्रम मुखार व्हेलो. हो येवकार सुवाळो खूब सूंदर जालो. सुरवातेक तिसऱ्या वर्साच्या भुरग्यांनी एका हिंदी गिताचेर नाच करून आमकां येवकार दिलो. उपरांत कोंकणी विभाग मुखेली डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय हाणें कोंकणी विभागाच्या ‘पिकी पिकी काजुले’ ह्या न्यूज लॅटरचें उक्तावण केलें. हातूंतल्यान विद्यार्थी आपली लेखनाची कला सादर करूंक शकतात अशें ताणें सांगलें.  उपरांत ताणें न्यूज लॅटरा विशीं मार्गदर्शन करून विद्यार्थ्यांनी लेखनाची आनी वाचनाची आवड निर्माण करपाक जाय असो उलो मारलो. मेंटरींग ह्या उपक्रमा विशींय विद्यार्थ्यांक सांगलें. चलो स्कूल मॅगा ड्रायव ह्या खाशेल्या कार्यावळीविशीं माहीती दिवन *इंटर्नशिप* आनी *नॉन ऍकॅडॅमीक क्रॅडीट* पासत वावर करुन ताचो फायदो करुन घेवंक मार्गदर्शन करतना परिक्षे विशींय सांगलें. जण एका विद्यार्थ्यान सगळ्यो सी. ए. दिवप महत्वाचें आनी परिक्षेंत बऱ्या गुणांनी उत्तीर्ण जावप तितलेंच गरजेचें अशें सांगून विद्यार्थ्यांक येवकार दिवन तांकां पर्जळीत फुडार मेळचो अशी आस्त उक्तायली.

सगळे विद्यार्थी बॉलीवूड कलाकारांचो भेस करून आयिल्ले. सगळीं पळोवंक खूब सुंदर दिसतालीं. उपरांत दुसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांनी आपल्या मधूर आवाजांत गोंयचीं लोकगितां गावन सगळ्यांचीं मनां भुलयलीं. तिसऱ्या वर्साच्या भुरग्यांनी  कांय  स्पॉट प्रायज दवरिल्ले. सहाय्यक प्राध्यापक शिवानी श्रिहरी वेरेंकारान सिनेमा वळखात, आनी  सहाय्यक प्राध्यापक ग्लिनीस डायसान पारखणीं ह्या सर्तीचें आयोजन केलें तर सहाय्यक प्राध्यापक सियालीनी फॅर्नांडीसान आपल्या गोड आवाजांत गीत गायलें आनी वातावरण आनीकय प्रसन्न केलें. तिसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थांनी प्रस्न मंजूशा सर्त घडोवन हाडली. उपरांत कार्यावळीच्या निमाणे कडेन पयल्या वर्साचें विद्यार्थी साईशा शेट शिरेडकारान उपकाराचें उलोवप केलें.



**दिव्या मराठे**

# परजळीत नाताल



एलरीया फॅर्नांडीस



क्रायजा वालीस

## वारो खुशालकायेचो

म्हयनो येतच डिसेंबराचो
घरां घरांनी वारो खुशालकायेचो
सगळ्यांक साद भावपण आनी एकचाराचो
बाळक जेजूच्या जल्माचो दीस तो नातालांचो

भुरगीं लागलीं करूंक गोटे
कुसवार दिवन केले वांटे
पयसुल्ल्यान घरा येतात सगळे फांटे
पयस करूंक सगळे रागाचे कांटे

नेटोवन आपलीं ल्हान-व्हड घरां
गितां गायतात ल्हान ल्हान पोरां
संतोस भरीत सगळीं गांव-शारां
ना करीत तीं दुखाचीं ल्हारां

दुखी काळीज दिता संतोस
दुस्पोट जाल्ल्याचो करून एकवट
सगळ्याक शिपडावंन मोग, शांती, संतोस
नातालांची संवसाराक मेळटा खुशालकाय

## बाळक जेजूचो जल्म

पवित्र आतम्या उदेशीं
आंकवार मारीयेच्या कुसव्यांत
गोरवां गोट्यांत मोनजाती मदें
बाळक जेजूचो जल्म जालो

चकचकीत नखेत्रां पेटलीं
संवसारांत खोशयेचो वारो सुटलो
बाळक जल्माक आयलो म्हूण
आंज बोडव्यांनी निरोप दिलो

खुशालकायेन तीग विद्वान
धूप, गोणरोस, भांगार घेवन आयले
सोपुरल्ल्या बाळक जेजूक पळोवन
सगळेच थंय खोशयेन भरले

आयज जेजूचो जल्म दीस
पुराय संवसार मनयता
तेच मिनतान दर वर्सा
मनीस आपली नवसर्णी करता

पातकाची सोडवण दिवंक
जेजू क्रिस्त खुरसार मेलो
पूण देवान सांगलेल्या प्रमाणें
तिसऱ्या दिसाक जिवंत जालो

क्रिस्ता तूंच आमचो
राखणदार विस्वास भरवंसो
वोतोय आमचेर सगल्यांचेर
आशिर्वाद तुज्या मायेमोगाचो

# उजवाड नखेत्रांचो



लिजॅल आजावेदो

## नातालां मनोवपा फाटलें कारण

दर वर्सा 25 डिसेंबराक क्रिस्तांव लोक नातालांची परब मनयतात. हो एक व्हडलो क्रिस्ती सण. ही परब मनोवपाक न्हय फकत क्रिस्तांव लोक पूण दुसऱ्या धर्माचेय लोक वांटो घेतात. हो दीस जोजेफ आनी भागीवोंती आंकवार मारीयेचो पूत, जेजू क्रिस्ताचो जल्मदीस. आमी सगळ्यांनी नातालां दिसांनी क्रिस्तांव लोकांक गोठो करतना पळयला आसतलें. पूण कितल्या जाणांक हाचे फाटलें कारण खबर आसा? जेन्ना जोजेफ आनी मारी बॅथलेहॅम ह्या शारांत आयली, तांका रावपाक लेगीत सुवात नासली. म्हणून तीं एका गोठ्यांत रावलीं. बाळक जेजूचो जल्म ह्याच गोठ्यांत जालो. तेन्नाच्यान नातालां दिसाक, घराघरांनी गोठो करतात.

नातालांची तयारी डिसेंबराच्या पयल्या सप्तकांत सुरू जाता पूण नातालांचो आरंभ 25 डिसेंबर रातच्या बारा वरांचेर सुरू जाता. 24 डिसेंबराक “ख्रिसमस इव्ह” मनयतात. क्रिस्तांव लोक कपेलांत वा इगर्जेंत वतात आनी "कॅरोल" गितां म्हणटात. ताचे उपरांत बारा वरांचेर मिसांत वांटो घेतात. मीस जावन एकामेकांक नातालांची परबीं दितात.

25 डिसेंबर क्रिस्ती समाज आपलें घर सजयतात, एक नातालांचें झाड लायतात. ह्या दिसाक लोक आप-आपल्या घरांनी तरेतरेचीं गोड खाणां करतात. जशे नेवऱ्यो, बिबींक, धोदोल, करमलां, दोस, केक, आदी. हीं गोड खाणां आपल्या दुसऱ्या धर्मांच्या इश्टांक दितात. सगळीं एकामेकांगेर येता वतात. सगळीं भुरगीं नातालांची वाट पळयतात. तीं “नातालांचो पाय” जो तांच्या खातीर खुबश्यो भेटो घेवन येता, ताका रावतात. जानेवरीच्या 6 तारके मेरेन ही नातालांची परब चलता. आख्ख्या संवसारांत ही परब मोठ्या उमेदीन मनयतात. नातालां म्हणल्यार न्हय फकत नवे कपडे घालप, घर सजवप, नातालांचें झाड लावप, पूण नातालां मनोवन जेजूच्या वावराची, ताचे शिकवणेची याद करतात. म्हणून हो उत्सव जावन आसा एक खोशयेचो आनी उमेदीन भरिल्लो उत्सव.


**<u>संपादक मंडळ:</u>**

**संपादक- ग्लिनीस डायस**

**उपसंपादक - शिवानी श्रीहरी वेरेंकार**

**मार्गदर्शक – डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय**


